Date : 13/09/2025

राष्ट्रीय खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मणिपूरांतल्या लोकांनी आपलीं सपनां पुराय करपाक आनी तरणाट्यांचे प्रगती आनी कल्याणा खातीर शांततायेचो मार्ग आपणावपाचो उलो मारलों.

- प्रधानमंत्रांनी चुराचंदपूर जिल्ह्यांतल्या शांतताय मैदानाचेर 7हजार 300 कोटी रुपया परस चड मोलाच्या वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पांचो बुन्याद घालो.

- केंद्र सरकार मणिपूर सरकाराक राज्यांतल्या उदरगत आनी शांतताये खातीर पुराय आदार दितलें अशें तांणी आश्वासन दिलें.

ताचे पयली प्रधानमंत्री मोदी हांणी आभासी पावन्द्यार मिझोरामांतल्या आयझोलांत 9 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर घालून काय प्रकल्पांचे उक्तावण केलें. हे प्रकल्प रेल्वे, रस्ते, उर्जा, खेळ, यासयत कितलेशाच क्षेत्रांक मदत करतले. भारत ही संवसारांतली सगळ्यांत नेटान वाडपी मुखेल अर्थवेवस्था आसून ईशान्य राज्यां देशाचे उदरगतीचें इंजिन जावपाक लागल्यात अशें ताणी स्पश्ट केलें. नव्या बैराबी-सैरांग रेल्वे प्रकल्पाचें उक्तावण करतना प्रधानमंत्रांनी सांगले

पयलेच खेपे मिझोरामांतल्या सैरांगाक राजधानी एक्सप्रेसा वरवीं थेट दिल्लीक जोडटले. तशेच सैरांग-दिल्ली राजधानी एक्सप्रेस, सैरांग-गुवाहाटी एक्सप्रेस आनी सैरांग-कोलकाता एक्सप्रेस अश्या तीन नवी एक्सप्रेस गाडयकं तांणी पाचवो बावटो दाखयलो.

उपरांत आसाम भेटी वेळार प्रधानमंत्री डॉ भूपेन हजारिका हांच्या शंबरव्या जयंतीच्या उगडासाक गुवाहाटींत आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत वांटो घेतले. तशेच बिहाराक भेट दिवन पूर्णिया विमानतळाच्या नव्या टर्मिनल इमारतीचेंय ते उक्तावण करतले.

विकसीत भारत युवा संवाद फुडारी हे तरणाट्यांच्या फुडारपणा खाला लोकशायेची खरी देख आसा अशें युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री मनसुख मांडवीय हांणी सांगलें. नवी दिल्लींत जाल्ल्या विकसीत भारत युवा संवाद 2026 वेळार ते उलयताले (bytes20 sec). विकसीत भारताचें सपन पुराय करपा हेतान तरणाट्यांची प्रतिभा आनी तांकीचो उपेग करपा खातीर हो मंच तयार केला अशें ताणी सांगलें.

भारताक वर्स 2027सात जावपी 5 व्या कोस्ट गार्ड ग्लोबल समिटाची येजमानकी करपाची संद मेळ्ळ्या, जी भारताच्या वाडट्या दर्यावेल्या फुडारपणाखातीर म्हत्वाचें पावल आसा अशी म्हायती भारतीय तटरक्षक दळान दिली. 2027 वर्सा भारतांतल्या चेन्नयत ही परिशद जातली हातूंत फ्लीट रिव्ह्यू आनी ग्लोबल कोस्ट गार्ड परिसंवाद आसतलो.मजगतीं, रोमांत जाल्ल्या चवथ्या शिखर सभेंत भारता सयत 115 देशांनी आनी वेगवेगळ्या संघटनांनी वांटो घेतलो. भारतीय दर्यादेग रक्षक महासंचालक परमेश शिवामणी हांणी ह्या शिखर सभेंत भारतीय शिश्टमंडळाचें फुडारपण केलें. संवसारीक दर्यादेग राखणदारांच्या परस्पर सहकार्याच्या प्रस्नाचेर हे शिखर सभेंत भर दिलो.

भारत हरित हायड्रोजन नवनिर्माणाचें जागतीक केंद्र जावपक सज्ज आसा असो विस्वास केंद्रीय अक्षय उर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हाणी उक्तायला . नवी दिल्लींत जाल्ल्या दोन दिसांच्या पयल्या हरित हायड्रोजन संशोधन आनी विकास परिशदेच्या  समारोप सुवाळ्यात ते उलयताले. हरित हायड्रोजनाचे म्हत्व रेखांकित करतना  भारतान 2070 मेरेन निव्वळ शून्य उत्सर्जन साध्य करपाच्या प्रवासाक सुरवात केल्या अशें ताणी सांगलें.  आपल्या राष्ट्रीय हरित  हायड्रोजन मोहिमेतल्यान भारत हायड्रोजन तंत्रज्ञानाच्या नवनिर्माण, उत्पादन आनी उपयोजना खातीर जागतीक केंद्र म्हणून उदेतलो.

स्वातंत्र्य दिसा लाल किल्ल्याच्या तटबंदीवेल्यान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी next generation जीएसटी सुदारणांची घोशणा केली. ह्या म्हयन्याचे 3 तारखेक जीएसटी काउन्सिलान कितल्याशाच क्षेत्रांत कर दर उणे करून नागरिकांचें जिवीत सोंपें करपा खातीर सपन पुराय केलें. ह्या जीएसटी सुदारणांक लागून सरकारान गरजेच्या खाद्यपदार्थांचेर आनी स्थिर उत्पादनांचेर कर उणो करून नागरिकांक व्हड थाकाय दिल्या.

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन बिहार, बंगाल, तेलंगना उत्तराखंड आनी ईशान्य राज्यांतल्या कांय सुवातींनी वादळी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच आयज कर्नाटक, कोंकण आनी गोंय, मध्य महाराष्ट्र, ओडिशा आनी विदर्भात चड पावस पडपाची शिटकावणी खात्यान दिल्या.

दादल्यांच्या दोत्टी गटात भारताच्या सात्विकसैराज रांकिरेडी आनी चिराग शेट्टी ह्या जोडयेन हांग्कांग ओपन बॅडमिंटन सर्तींतचे फायनलींत पावलं घाला .

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर